18th November 2025 7.25am

Panaji Regional

Rashmi –
रश्मी/DIP - 160
लोकामुखार सत्य कीते ते दवरपाच्या नदरेतल्यान पत्रकारीता आयच्या काळातले लेगीत महत्वाचे माध्यम जावन आसा अशे मत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी उक्ताय्ला.पेपराचो खप वाडचो म्हण बातमी सनसनाटी करची न्ही अशेय आवाहन तांणी केला.राश्ट्रीय पत्रकार दिसाच्या कार्यावळीत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत उलयताले. ह्यावेळार तांच्या हस्तुकी, द गोवन एवरी डे चे संपादक जोयल आफांन्सो, तरुण भारत दिसाळ्याचे ज्येष्ठ पत्रकार जय नाईक, भांगरभुंयचे ज्येष्ठ पत्रकार अतुल पंडीत, दौनिक नवप्रभाचे ज्येठ पत्रकार बबन भगत, द नवहिन्द टायम्सचे ज्येश्ठ फोटोग्राफर नंन्देश कांबळी हांचो पत्रकारीतेतल्या योगदानाखातीर भौमान केलो. तशेंच नामनेचे कार्टुनिस्ट एलेक्सीज फर्नाडीस हांका जीवनगौरव पुरस्कार ह्यावेळार भेटयलो. सत्य सदाच महत्वाचे आसा आणि ते लोकां मुखार येवूंक जाय.

वृत्तांकन करताना, दोनुय बाजू समजुन घेवप अत्यंत महत्वाचे आसा . सरकार राज्याच्या विकासा खातीर काम करता आणि बरे काम करताना सरकाराचेर टीका करून लोकांचे तसेच राज्याचे नुकसान करचे न्हय. राज्याची प्रतिमा आमका सर्वोच्च आसा आणि ती तीगोव्न दवरपाक आमी काम करूया असे तानी म्हणले. पत्रकार आनी प्रसार माध्यमांचे प्रस्न आनी मागणी सोडोवपाचे आपूण लक्ष घालतलों अशें तांणी आश्वासन दिलें.Byte

गणेश 100
जिल्हा पंचायत वेंचणुकेत भारतीय जनता पक्षाचो म्हजे घर येवजण आनी सरकारान केल्या उदरगतीचेर भर आसतलो. वेंचणुकेची सवीस्तर कार्यावळ जाहीर जातकीर उमेदवारांची घोशणा जातली. पक्षाच्या सुकाणू समितीच्या बसकेत जिल्हा पंचायत वेंचणुकेचो प्रचार आनी रणनितीचेर विचार जालो, अशी म्हायती सुकाणू समितीचे वांगडी सिद्धार्थ कुंकळ्येकार हांणी दिली. राज्यात 13 डिसेंबराक जिल्हा पंचायत वेंचणूक जातली. खयच्याच खीणाक आचारसंहिता लागू जावपाची आशिल्ल्यान भारतीय जनता पक्षान वेंचणुकेची तयारी सुरू केल्या. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांचे फुडारपणाखाला सुकाणू समितीची बसका जाली. जिल्हा पंचायतीची आचारसंहिता लागू जाली काय पक्षाचे उमेदवार जाहीर जातले. प्रचार तशेच रणनितीचेर बसकेत चर्चा जाली.

सुशांत 10
आम आदमी पक्षान जिल्लो पंचायत वेंचणूक लढोवपी पयल्या 14 उमेदवारांची वळेरी जाहीर केल्या.

SIR 70
खाशेल्या सघन पुनरावृत्ती म्हण्ल्यार SIR हे प्रक्रिये खाला सुरवाती सावन पुरायपणान नवी वेंचणूक वळेरी तयार करप ह्या मुखेल हेतान देशभरांतल्या एसआयआर प्रक्रियेची तारीख मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी जाहीर केली. ते खातीर पुराय देशभरा सयत गोयातूय BLO म्हण्ल्यार बूथ लेवेल अधिकारी घरा घरानी फिरून फोरमा वाटतात. हे विशी मतदारांनी गणनेचो फॉर्म सादर करचो आणि स्वच्छ, अद्ययावत आणि वेवस्थित मतदार वळेरी तयार करपाक मदत करची .हे विशी आय्कात DISTRICT ICON प्रदीप आनंद नाईक हांचे म्हणणे BYTE

सुशांत 100
22 आनी 23 नोव्हेंबराक कन्नूर - केरळ हांगा जावपी २६व्या अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनाचे उक्तावण सरस्वती सन्मान पुरस्कार मेळिल्ले नामनेचे साहित्यकार प्रभा वर्मा हांचे हस्तुकी जावपाचे

आसा. अखिल भारतीय कोंकणी परिषदेन उजवाडाईल्ल्या खबरेत २२ नोव्हेंबरक कन्नूर केरळ हांगाच्या ए. जे. सभागृहात सकाळी १० वरांचेर हो उक्तावण सुवाळो जातलो. ह्या सुवाळ्याक मानाचे सोयरे म्हूण गोंयच्या राजभास संचालनालयाचे उपसंचालक अनिल सावंत हाजीर आसतले. ह्या संमेलनाचे अध्यक्षपदार नामनेचे साहित्यीक लेखक माधव बोरकार आस्तले. 23 तारखेक दनपारां 3.30 वरांचेर समारोप सुवाळो सुरु जातलो. ह्या सुवाळ्याक केरल उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश एन. नागेश मुखेल सोयरे म्हूण तर नामनेचे कन्नड लेखक जयंत कायकिणी मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर आसतले.

Weather – 20

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 33 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 21 degrees celcius इतले आसतले.

Chess – 50

गोंयांत चलतल्या फिडे बुध्दिबळ विश्वचषक सर्तींत अर्जुन एरिगाईसीन पयले क्वार्टर फायनल मॅचींत चीनाच्या वेई यी को आड बरोबरी केली. हो खेळ बेगीन सोंपलो फक्त 31 चाली आनी 59 मिनटां चल्लो. फिडे विश्वचषकांत 24 भारतीयांनी वांटो घेतला आनी अर्जुन हो 6 व्या फेरयेंत पावपी एकमेव खेळगडो आसा.